**ज्ञानपीठकार रवींद्र केळेकार आनी स. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जल्मशताब्दी दिसा निमतान गोवा कोंकणी अकादेमीत कार्यावळ**

ता. 26 सप्टेंबर 2024

ज्ञानपीठकार रवींद्र केळेकार आनी स. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जल्मशताब्दी दिसा निमतान गोवा कोंकणी अकादेमीन शेनवार ता. 28 सप्टेंबर 2024 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर शणै गोंयबाब सभाघरांत एका खाशेल्या कार्यावळीचें आयोजन केला. ही कार्यावळ "कोकणीं अस्मितायेची चळवळ आनी रवींद्रबाब" आनी "मनोहरराय सरदेसायाच्यो यादी आनी कविता" अशा दोन विभागांनी जातली. कार्यावळीच्या पयल्या सत्रांत जेश्ठ साहित्यीक श्रीमती हेमा नायक "कोकणीं अस्मितायेची चळवळ आनी रवींद्रबाब" ह्या विशयाचेर उलवप करतली. जाल्यार दुसऱ्या सत्रांत "मनोहरराय सरदेसायाच्यो यादी आनी कविता" ह्या विशयाक धरून आमंत्रीत कवी मनोहररायांच्या कवितांचे वाचन करतले. राजश्री सैल, विजया शेळडेंकार, सुनिल पालकार, जॉन आगियार, रत्नदीप वस्त, गुणाजी देसाय, रमेश घाडी, सर्वानंद देसाय, भालचंद्र नायक, एँथनी वाझ, एन. सुहास, सुरंगा मडकयकार, प्रकाश नायक, जितेंद्र फडते, विनायक गोवेकर, अनिल वेर्णेकर, शकुंतला भरणे, मधुसुधन बोरकर, जितेंद्र अडकोणकर, सुनिल सरदेसाय आनी उमेश सरदेसाय हे मनोहररायांच्यो कविता सादर करतले.

सगळ्या साहित्य मोग्यांनी हे कार्यावळीक हाजीर रावचे अशें आवाहन गोवा कोकणीं अकादमीचे प्रभारी अध्यक्ष वसंत सावंत हांणी केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/511

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.